मुखेल खबरो

भारताचे स्टार्टअप इकोसिस्टम दाखोवपी स्टार्टअप महाकुंभ नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपम हाँगा आयज सावन सुरू जाता.

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी आज सकाळीं तेलंगणाच्या जगतियालांत विजय संकल्प सभेक मार्गदर्शन करतले.

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (एनटीए) न पयली जाहीर केल्ल्या CUET प्रमाण मे म्हयन्यांत 15 ते 31 तारके मेरेन सीयूईटी-यूजी परिक्षा जातली.

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हाणी इतिहासीक पांचव्या फाव्ट राष्ट्रपती वेंचणुकेंत जैत मेळयला.

काल रातीं नवी दिल्लीच्या अरुण जेटली मैदानार रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून दिल्ली कॅपिटल्साक 8 गड्यानी हारोवन बायलां प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीचे वस्तादपण मेळयलें.

आता पुराय खबरो

STARTUP MAHAKUMBH-150

भारताची स्टार्टअप इकोसिस्टम दाखोवपी एक व्हडली कार्यावळ स्टार्टअप महाकुंभ आयज आयज सावन नवी दिल्लीत सुरु जातली. ही कार्यावळ ह्या म्हयन्याचे 20 तारखे मेरेन भारत मंडपमांत जातली. ह्या कार्यावळींत एआय, बी टू बी, एग्रीटेक, डीपटेक, क्लायमेट टेक, गेमींग, ईस्पोर्ट्स, फिनटेक, इनक्युबेटर accelerata आनी एक्सीलरेटर ह्या दालनां सयत वाठार केंद्रीत दालनां आसतले. स्टार्टअपांक वेंचर कॅपिटलस्ट, गुंतवणूकदार आनी संभाव्य वेवसायिक जाळवणदारांकडेन सयक्ष आविश्कारकांच्या स्पेक्ट्रमा कडेन जोडपाचो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा.

राष्ट्रीय राजधानींत इतल्या व्हड प्रमाणांत आयोजीत जावपी ही पयलीच कार्यावळ आसा अशे नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना डीपीआयटीचे सचीव राजेश कुमार सिंग हांणी सांगलें. भारतांत तिसरी व्हडली स्टार्टअप इकोसिस्टम आसा आनी दर दिसा व्हड प्रमाणांत स्टार्टअप हे वळेरेंत भर घालतात अशें राजेश कुमार सिंग हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री आस्त नरेंद्र मोदी हे कार्यावळींत वांटो घेवपाची अपेक्षा आसा अशें तांणी मुखार सांगलें. ह्या व्हहमा महाकुंभात दोन हजारां परस चड स्टार्टअप, तीस हजार फुडाराचे उद्देजक, पन्नास हजार वेवसायीक भेटीदार, हजारांनी गुंतवणूकदार आनी धा देशांतले पांचशें वयर इनक्युबेटर आनी प्रतिनिधी मंडळी वांटो घेतले

PM TELANGANA-100

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आज सकाळी तेलंगणाच्या जगतियालांत विजय संकल्प सभेक मार्गदर्शन करतले. सभेखातीर भाजपा फुडाऱ्यांनी सगली वेवस्था केल्या. प्रधानमंत्री मोदी आयज सकाळी 11.30 वरांचेर गीता विद्यालयाच्या मैदानाचेर भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. निजामाबाद, करीमनगर आनी पेड्डापल्ली संसदीय मतदारसंघांतले भाजपाचे उमेदवार हे बसकेक हजर आसतालें. लोकसभा वांगडी अरविंद धर्मपुरी आनी पक्षाचे निजामाबाद जिल्हो अध्यक्ष के. दिनेश कुमार हाणी ह्या भौशिक सभेचा। तयारेचो नियाळ घेतलो फाटल्या 5 दिसांत मोदी हांची तेलंगणातलीही तिसरी कार्यावळ. देशाच्या दक्षिण भागांतल्या 5 राज्यांच्या भेटीचो एक भाग म्हूण हांचे पयली तांणी मलकाजगिरी हांगा जाल्ल्या मेगा रोड शोंत वांटो घेतलो आनी दोन दीस आदीं नगरकुर्नूलांत विजय संकल्प सभेक मार्गदर्शन केल्ले.

यूईटी-यूजी 80

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (एनटीए) न पयली जाहीर केल्ल्या प्रमाण मे म्हयन्यांत 15 ते 31 तारके मेरेन सीयूईटी-यूजी परिक्षा जातली.

ह्या काळांत में म्हयन्यांत 20 आनी 25 तारकेक सार्वत्रिक वेचणुको आसात. 26 मार्चाक अर्ज भरपाची निमाणी तारीख जाल्या उपरांत सीयूईटी-यूजी खातीर नोंदणी केल्ल्या विद्यार्थ्यांची संख्या आनी तांच्या परिक्षा केंद्रा कळटली अशें युजीसीचे अध्यक्ष एम जगदेश कुमार हांणी सोशल मिडिया बोस्टांत सांगलां. ह्या आंकडेवारीचेर आनी वेंचणुकेच्या तारखेचेर आदारीत एनटीए 15 ते 31 मे ह्या काळांत सीयूईटी-यूजी परिक्षेचे वेळापत्रक जाहीर करतले अशें तांणी सांगलें.

Story

चणूक आयोगान वैचणूक वेळापत्रक जाहीर केल्या उपरांत राजकी पक्षांनी रॅलीचे आयोजन करून वेंचणूक प्रक्रिया सुरु केल्या. तशेंच वैचणूक आयोगान वेंचणुके खातीर विस्तारान मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्ल्यान आदर्श आचारसंहिता लागू जाल्या. आयतारा आंध्र प्रदेशांतल्या માલ્ટીવ ભોમનાય આવાદી पालनाडू जिल्हयांत एनडीएखातीर वैचणुकेच्या पयले रॅलींत उलोवप करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी एनडीए युती प्रादेशिक आकांक्षा आनी राष्ट्रीय उदरगत ह्या दोनूय गजालींचो विचार करून मुखार वता अशें स्पश्ट केलें. विकसीत भारता खातीर विकसीत आंध्र प्रदेश उबारप हो एनडीएचो हेत आसा अशें तांणी सांगलें. आंध्र प्रदेशांत एनडीएचें डबल आसल्यार इंजिन सरकार आशिल्ल्यान हांगाच्या उदरगतीक आनीकय गती मेळटली अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. शेतकारांच्या ल्हान ल्हान गरजांकडेन सरकार लक्ष दिता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. पीएम-किसान सम्मान निधी खाला ह्या वाठारांतल्या शेतकारांक 700 कोटी रुपयां परस चड पयशे मेळ्ळयात अशे तांणी सांगलें. तशेंच आपल्या सरकाराच्या काळांत जायत्या मुखेल शिक्षणीक संस्थांचें उक्तावण वा बुन्यादी फातर घाल्यात हाचेर प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो. तांणी नागरिकांक विकसित भारता खातीर डबल इंजिन सरकार वेंचून काडपाचो उलो मारला. आंध्र प्रदेशाच्या अभिमानाचो अनादर केल्ल्यान कॉंग्रेसीचेर टिका करून प्रधानमंत्र्यानी |

आपल्या सरकारान ताका मान दिवपाचे बांदीलकायेचेर भर दिलो. तेलुगू देशम पक्षाचे मुखेली एन. चंद्र बाबू नायडू, जेना सेना पक्षाचे मुखेली पवन कल्याण, आनी तिनूय पक्षांचे फुडाऱ्यांनी वेंचणुक रॅलींत वांटो घेतलो.

UTIN-FIFTH TERM 30

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हाणी इतिहासीक पांचव्या फाव्ट राष्ट्रपती वेंचणुकेंत जैत मेळयला. हे जैत म्हळ्यार देशाक आपल्याचेर आशिल्ल्या विस्वासाची आनी आशेची लक्षणां अशे म्हणतआपल्या आदींच थारायिल्ल्या वेंचणुकेंतल्या जैताची पुतीन हांणी तोखणाय केली.

M-J&K 60

श्रीनगरांतल्या दल तळ्यादेगेर जाल्ल्या पयल्याच फॉर्मूला-4 कार शॉवरवी जम्मू-काश्मीराची सोबीतकाय दाखोवपाक आनीक मदत जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. भारतांत मोटारस्पोर्ट्सांक बेसबरी व्हड संदी मेळटा आनी श्रीनगर अशे शो घडोवन हाडपाखातीर पयल्या क्रमांकार आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें. काल श्रीनगरांतल्या दल तळ्याचे देगेर पयलेच खेपे फॉर्मूला 4 कार शो जालो.

Commission electoral bonds 75

सर्वोच्च न्यायालयाच्या Registry वरवी मेळिल्ल्या वैचणूक रोख्यांचो डिजिटल डेटा वेंचणूक आयोगान आपल्या संकेतथळार अपलोड केला. ही म्हायती वैचणूक आयोगाच्या संकेतथळार eci.gov.in/candidate- politicalparty ह्या संकेतथळार पळोवंक मेळटा. सर्वोच्च न्यायालयाच्या सुचोवण्यां प्रमाण राजकी पक्षांनी वेंचणूक मंडळा कडेन संबंदीत आशिल्लो डेटा सीलबंद लिफाफ्यांत दिल्लो आनी लिफाफो उगडनासतना तो सर्वोच्च न्यायालयात दिल्लो अशें आयोगान सांगलां.

15 मार्चाक न्यायालयान दिल्ल्या निर्देशा प्रमाण सर्वोच्च न्यायालयाच्या Registry न हो डेटा फिजिकल माध्यमांत सील कव्हर आनी पेन ड्रायव्हांत वेंचणूक आयोगाक परतून दिला.

Mection Commission - Arunachal Pradesh and Sikkim 105

अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किम विधानसभा वेंचणुके खातीर मत मेजणीची तारीख वैचणूक आयोगान 4 जून बदला 2 जून अशी बदलल्या. दोनूय राज्यांतल्या हेर कसल्याच वेळापत्रकांत तशेच लोकसभेखातीर मतमेजणींत कसलोच बदल जावचो ना अशें निवेदनांत म्हणलां. 19 एप्रीलाक जावपी लोकसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्या वांगडाच 32 वांगड्यांची सिक्किम विधानसभा आनी 60 वांगडी अरुणाचल प्रदेश विधानसभेखातीर मतदान जातले. 175 वांगड्यांची आंध्र प्रदेश विधानसभा वैचणूक 13 मे दिसा एकाच पांवड्यार जातली आनी 147 वांगड्यांची ओडिशा विधानसभेची वेंचणूक लोकसभा वेंचणुके वांगडाच 13, 20, 25 में आनी 1 जून दिसा चार टप्प्यांनी जातली. वेंचणूक आयोगान काल सार्वत्रिक वैचणुके वांगडाच सिक्किम, ओडिशा, आंध्र प्रदेश आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या विधानसभा वेंचणुकेचें वैचणूक वेळापत्रक जाहीर केल्लें.

internal Affairs Ministry 50

अहमदाबादच्या गुजरात विद्यापिठांत जाल्ल्या हिंसाचारांत दोन विदेशी विद्यार्थी जखमी जाल्ल्याचें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. तातूंतल्या एका विद्यार्थ्याक वैजकी मदत मेळ्ळ्या उपरांत हॉस्पिटलांतल्यान डिस्चार्ज दिला अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें. राज्य सरकार गुन्यांवकारांचेर खर कारवाय करता आनी विदेश वेव्हार मंत्रालय गुजरात सरकाराच्या संपर्कात आसा अशें तांणी सांगलें.

Rahul Gandhi 175

सध्याची झगडी फकत भाजपा आनी काँग्रेस पक्षांमदी न्हय तर दोन विचारसरणीं मदीं आसा अशें काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांणी सांगला. आयज दक्षिण मुंबयंत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना, काँग्रेस सत्तेच्या विकेंद्रीकरणाचेर भर दिता, जाल्यार सत्ताधारी पक्षाची विचारसरणी म्हळ्यार देशाचेर केंद्रा वयल्यान राज्य करचें अशें तांणी सांगलें. मुंबयच्या महात्मा गांधी हांच्या घरा आशिल्ल्या मणिभवनासावन ऑगस्ट क्रांती मैदानामेरेन ताणी 'न्याय संकल्प पदयात्रा' केली. काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हाणी आयज मुंबयंत डॉ बाबासाहेब आंबेडकर हाँका तांच्या चैत्यभूमिंत आर्गां ओपून तशेच संविधानाची प्रस्तावना वाचून आपली 63 दिसांची भारत जोडो न्याय यात्रा सोंपयली. बेकारी, हिंसाचार, दुस्वास, चलनवाड, शेतकारांचे प्रस्न, अग्निवीर प्रस्न अशे खरे प्रस्न प्रसार माध्यमांकडल्यान दुर्लक्षीत जावपाक लागिल्ल्यान ही आव्हानात्मक भारत जोडो यात्रा आपणाक करची पडली अशे राहूल गांधी हाणी सांगले. राहुल गांधी मुंबयच्या शिवाजी पार्कांत INDIA युतीच्या रॅलीक संबोधीत करताले. राष्ट्रवादी कांग्रेस पार्टी मुखेली शरद पवार, शिवसेना (यूबीटी) अध्यक्ष उद्धव ठाकरे, तमिळनाडूचे मुखेलमंत्री आनी डीएमकेचे मुखेली एम के स्टालिन, झारखंडाचे मुखेलमंत्री आनी झामुमो फुडारी चंपाई सोरेन, राजद फुडारी तेजस्वी यादव, राष्ट्रीय परिशदेचे अध्यक्ष फारूक अब्दुल्ला, आनी आम आदमी पक्षाचे फुडारी सौरभ भारद्वाज, पीडीपी फुडारी महबूबा मुफ्ती हे रॅलीक हाजीर आशिल्ले.

PL 40

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीच्या निमाण्या खेळात काल रातीं नवी दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू (आरसीबी) पंगडान दिल्ली कॅपिटल्साक 8 गड्यानी हारयले. दिल्ली कॅपिटल्सान थारायिल्ल्या 114 धांवड्यांची मोख गाठतना आरसीबीन 19.3 ओव्हरींनी 2 गडे वगडायत 115 धांवड्यो केल्यो.

आता परतुन एक फावट कांय मुखेल खबरो

भारताचे स्टार्टअप इकोसिस्टम दाखोवपी स्टार्टअप महाकुंभ नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपम हाँगा आयज सावन सुरु जाता.

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी आज सकाळीं तेलंगणाच्या जगतियालांत विजय संकल्प सभेक मार्गदर्शन करतले.

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (एनटीए) न पयली जाहीर केल्ल्या प्रमाण में म्हयन्यांत 15 ते 31 तारके मेरेन सीयूईटी-यूजी परिक्षा जातली.

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हाणी इतिहासीक पांचव्या फावट राष्ट्रपती वेंचणुकेंत जैत मेळयला.

काल रातीं नवी दिल्लीच्या अरुण जेटली मैदानार रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून दिल्ली कॅपिटल्साक 8 गड्यानी हारोवन बायलां प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीचे वस्तादपण मेळयलें.